Akashwani Panaji 15th March 2026 7.25 am

शिक्षणाचेकेंद

गोंयांक शिक्षणाचे केंद्र करपाच्य हेतान राज्य सरकार काम करता. केंद्र सरकाराच्या मजतीन गोंयांत कृत्तीम बुद्धि, अक्षय उर्जा, bio -science, digitalशिक्षण आनी भालायकी सुविधेच्या मळार आम्ही महत्वाचे बदल करुंक शकले. ह्या मळाक लागपी साधन सुविधात केंद्र सरकाराच्या आदारान महत्वाचे नाविन्य बदल जाल्यात अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.गोंयात अर्थिक मळाक स्वावलंबी करताना, टॅकक्नोलॉजीच्य बाबतीन लेगीत स्वावलंबी करपाच्या नदरेतल्यान सराकर काम करता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी एका कार्यावालीत म्हणला.

मुख्यमंत्री

पुण्यातल्या टीळक महाराष्ट्र विद्यापीठांत 44 व्या दीक्षांत सुवाल्यात मुखेल्मंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांकां स्वयपुंर्ण गोय उपक्रम येसस्वी रित्या चालीक लायिल्लयाखातीर D.LIT ही पदवी दिल्या. एकावेळार दुसऱ्या राज्याचेंर निंबुन आशिल्ले गोंय राज्यांक शेतकी, पिकावळ , भाजयो, फुला, दुंद, ह्या सगळ्याचेंर स्वत स्वयंपुर्ण कशी करप ह्या दिखेन हो उपक्रम सरकरान चालीक लावपाचो येवजीलो आनी २ वर्साभितर ह्या उपक्रमाक उपाट प्रतिसाद मेळ्ळो. ही पदवी आनी भौमान स्विकारतना आपुण गोयकारांक तशेंच, हो उपक्रम येसस्वीपणान चालीक लायिल्लया प्रसासकीय अधिकाऱ्यांक हाचे श्रेय दिता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. कोरोना काळ म्हामारीचो काळ आसलो तरी लेगीत तातुंन स्वयपुर्ण जावपाची मोठी शिकवण गोंय सरकारान घेतली आनी आत्मनिर्भर भारत जातना गोंयाकं स्वयंपुर्ण करपाच्या दिखेन काम सुरु केले अशी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

niti

NITIAayog वित्तीय भलायकी निर्देशांक 2026 त गोंयचो क्रमांक पयल्या 10 कामगिरी करपी राज्यां मदीं दुसऱ्या नंबराचेर आसा. महसूल उरिल्लें अर्थसंकल्प आनी FISCAL RESPONSIBILITY AND SIGITAL MANAGEMENT FRBM नेमा भितर शिस्तबद्ध अर्थीक वेवस्थापन, भौतिक मुळाव्या साधनसुविधांचो मुखेल गुंतवणूक - रस्ते, जोडणी, पर्यटन आनी शार उदरगत,शिक्षण, भलायकी आनी कुशळटाय हातूंत गुंतवणूक करून मनीस मुळावी बांदावळ घटमूट करप,भौशीक साधनसंपत्तीचो वापर करपा खातीर कार्यक्षम महसूल एकठांय करप आनी बरे शासन,स्वयंपूर्ण गोंयांतल्यान समाजांक सशक्त करपाचेर गोंय दुसऱ्या नंबराचेर पावला.

Gas

गोंयांत गॅस सिलिंडर फावो त्या प्रमाणांत उपबल्ध आसात. सिलिंडर डिलर्सांक पुरवण सेगीत सुरू आसा आनी वेवसायीक सिलिंडर दिवप सुरू जाला, अशी म्हायती नागरी पुरवण खात्यातल्या अधिकाऱ्यान दिली. सिलिंडराचो फावो इतलो सांठो आसा आनी गॅस डिलर्सांक दिसाक १ ते २ सिलिंडराच्यो गाडयो येतात.

Adivasi

भारताच्या आदिवासी हस्तकला दायजाची परब मनोवपी गांधी शिल्प बाजाराचें प्रदर्शन आयतारा आंतरराष्ट्रीय केंद्र डोना पौला हांगा उक्तावण जातलें. दनपारां 2.30 वरांचेर राज्यसभेचे संसद वांगडी सदानंद शेट तनावाडे ह्या कार्यावळीचें उक्तावण करतले.कापड मंत्रालयाच्या राष्ट्रीय हस्तकला उदरगत कार्यावळी खाला आसाम राज्य ल्हान उद्देग उदरगत म्हामंडळान आयोजीत केल्लें हें प्रदर्शन 15 मार्च ते 24 मार्च मेरेन चलतलें.

Imd

पणजे वेधशाळेन दिल्या म्हायती प्रमाण आयज पणजेत चडान चड तापमान ३४ अंश आनी  उसात उणें  तापमान २५ अंश celcius नोंद जाला

Sports

गोय क्रिकेट संघटनेन १९ वर्सा पिराये सकयल्या चालियांच्या पंगडा खातीर उक्त्या निवड चाचणीचो आयोजन परवरी क्रिकेट अकादमीचेर केला . हि चाचणी २१ मार्च दिसा सकाळी ८.३० वरा सावन सुरु जातली.